Akashwani Panaji 2nd April 2026 National news 8.40 am

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सुरक्षा मंत्रीमंडळ समितीचे अध्यक्षपद सांबाळून वेगवेगळ्या मंत्रालयांनी आनी खात्यांनी घेतिल्ल्या उपायांचें नियाळ घेवपा खातीर खासा बसकेंत वांटो घेतलो

* रशियेचे पयले उपप्रधानमंत्री Denis Manturov आयच्यान भारता भेतीर आसतले .

* केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज दनपारां विधानसभा वेंचणुके आदीं प्रचार करपा खातीर दोन दिसांच्या भेटीचेर आसामांत पावतले.

*19 राज्यांनी आतां मेरेन 9.25 कोटी शेतकार आयडी तयार जाल्यात अशें केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां.

Pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल आसामांतल्या दोन वेंचणुकेच्या प्रचार रॅलींनी उलोवप केलें, आसामांत एनडीएच्या फाटल्या धा वर्सांत राज्यांत म्हत्वाची प्रगती जाल्या. आसामाक संवसारीक पांवड्यार वळखतात अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला. गरीब आनी मध्यमवर्गीय लोकांचें कल्याण भाजपा खातीर मुखेल प्राधान्य उरलां. समावेशी उदरगत साध्य करपा खातीर पक्षान

सदांच मुळावी बांदावळ, शिक्षण आनी भलायकी सेवा हांचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशें गोगामुखांत रॅलीत मार्गदर्शन करतना नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.

pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सुरक्षा मंत्रीमंडळ समितीचे अध्यक्षपद सांबाळून वेगवेगळ्या मंत्रालयांनी आनी खात्यांनी घेतिल्ल्या उपायांचें नियाळ घेवपा खातीर खासा बसकेंत वांटो घेतलो आनी अस्तंत आशियांतल्या चालू संघर्शाच्या संदर्भांत, नवी दिल्लींतल्या आपल्या निवासस्थानाचेर, फुडल्या उपक्रमांचेरूय चर्चा केली. ह्या विशयाचेर ही दुसरी खाशेली बसका आशिल्ली. हे बसकेंत प्रधानमंत्र्यानी सामान्य मनशा खातीर गंभीर गर्जनचेर मुल्यांकन केलें. खरीफ आनी रबी हंगामांत देशांत साऱ्याची उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर तांणी भासाभास केली. चालू आशिल्ल्या संघर्शाच्या वायट परिणामा पसून नागरिकांची राखण करपा खातीर सगळे यत्न करचे पडटले अशेंय निर्देश प्रधानमंत्र्यानी दिले.

kharif

अस्तंत आशियांत संकश्ट आसून लेगीत खरीफ हंगामा खातीर देशभरांत सारें, पिकाचीं बियां आनी शेतकी रसायनांचो फावो तो सांठो उपलब्ध आसा अशें सरकारान स्पश्ट केलां. शेतकी आनी शेतकार कल्याण खात्याचे अतिरिक्त सचीव डॉ मनिंदर कौर

द्विवेदी हांणी काल नवी दिल्लींत जाल्ले आंतरमंत्री बसकेंत अस्तंत आशियांतल्या हालींच्या घडामोडीं विशीं उलयतना अशें सांगलें. देशभरांत खरीफ पिकांचे एकशे पंच्यायशी  लाख क्विंटला वयर बियो उपलब्ध आसात अशी म्हायती दिली.

Russia

रशियेचे  पयले  उपप्रधानमंत्री Denis Manturov आयच्यान दोन दिसांच्या भारता भेतीर  आसतले . हे भेटी वेळार ते नवी दिल्लींत विदेश वेव्हार  मंत्री dr एस जयशंकर आनी केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांची भेट घेवपाचे आसात. तशेंच रशियेचे उपप्रधानमंत्री राष्ट्रीय राजधानींतल्या सेवा तीर्थ 3 हांगा राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत दोवल हांकां मेळटले.

Shah

केंद्रीय घरमंत्री आनी भाजपाचे  वरिश्ठ फुडारी अमित शाह आपल्या पक्षाच्या वेंचणुके संबंदीत कार्यावळींनी वांटो घेवपा खातीर काल रातीं कोलकाता पावले . आयज सकाळीं भाबनीपूर मतदारसंघांतल्यान उमेदवारी दाखल करतना ते  सुवेन्दु अधिकारी हांचे वांगडा आसतले . हजारा मोरे सावन सर्वेक्षण इमारती मेरेनच्या रोडशोंत ते  वाटेकर जातले

te आयज दनपारां विधानसभा वेंचणुके आदीं भारतीय जनता पार्टी आनी एनडीएच्या हेर उमेदवारांचे  प्रचार करपा खातीर दोन दिसांच्या भेटीचेर आसामांत पावतले. ते नगांव जिल्ह्यांतल्या कालियाबोर मतदारसंघांतल्या मिसा हायस्कुल मैदानाचेर दनपारां

सुमार 3 वरांचेर भौशीक रॅलीत  उलोवपाचो आसा. फाल्यां मंत्री  शाह सकाळीं 11 वरांचेर धुबरी जिल्ह्यांतल्या मेला मैदान मैदानाचेर भौशीक बसकेंत भाजपाच्या उमेदवाराक तेंको दितलो. उपरांत ते  गोलपारा जिल्ह्यांतल्या दुधनोईक वचून दुधनोई मतदारसंघाच्या उमेदवाराक तेंको दिवपा खातीर प्रचार रॅलीत मार्गदर्शन  करतले

Sujata

सध्या देशांत कच्च्या तेलाचो  सांठो जाय तीतलो उपलब्ध आसा. फुडले दोन म्हयने कच्च्या तेलाची पुरवण फावो त्या प्रमाणांत उरची हे खातीर सरकारान गरजेची वेवस्था केल्या अशे पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयांची  संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें. देशांतलीं तेल शुध्दीकरण केंद्रां सध्या पुराय क्षमतेन काम करतात आनी किरकोळ विक्री केंद्रांनी इंधन उणावाची घडणूक घडूंक ना अशी म्हायती संयुक्त सचीवान दिल्या.

इंदिरागांधी -

इंदिरा गांधी राष्ट्रीय मुक्त विद्यापिठाचो 39वो दीक्षांत सुवाळो 7 एप्रीलाक देशभर जातलो. मुखेल सुवाळो नवी दिल्लींतल्या मुखेल कार्यालयांत जातलो. ह्या सुवाळ्याक उप राष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आसतले. 51 प्रादेशिक केंद्रांनी एकाच वेळार हो सुवाळो जातलो. पणजी प्रादेशिक केंद्रांचो सुवाळो लोकभवनांतल्या ज़ुआरी हॉलांत, दनपारां 3 वरांचेर

जातलो. ह्यावेळार गोंयचे राज्यपाल पूसपती अशोक गजपती राजू मुखेल सोयरे आसतले. पणजी केंद्रांतल्यान वट्ट 1 हजार 517 विध्यार्थी, पदवी मेळोवपाक पात्र आसात. ह्या सुवाळ्या वेळार सुमार 150 विद्यार्थ्यांक, पदवी मेळटली.

Chouhan

19 राज्यांनी आतां मेरेन 9.25 कोटी शेतकार आयडी तयार जाल्यात अशें केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. तांणी  वेगवेगळ्या राज्यांच्या कृशी मंत्र्यां कडेन पुनर्विलोकन बसका घेतली. हे बसकेंत मंत्रीमंडळान साऱ्यांची सांठवण आनी काळ्या विपणना आड कारवाय करपक राज्यांक निर्देश दिले. शेतकारांक तांच्या उत्पादनाक फावो तें मोल मेळचें, कागाळी वेळार सुटावो करच्यो, खरेदी थेट शेतकारांकडल्यान करची अशें तांणी सांगलें. कांय पिकांची खरेदी करपा खातीर राज्यांक दिल्ल्या मंजुरी विशीं मंत्री चौहानान खरेदी खरपणान FAQ उत्पादनां मेरेन मर्यादीत आसची अशें निर्देश दिले.

budget

संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयज सोंपतलें. राज्यसभा आयज विचारा खातीर आनी संमत करपा खातीर आंध्र प्रदेश पुनर्गठन (दुरुस्ती) विधेयक, 2026 घेवपाची शक्यताय आसा. अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो पयलो भाग 28 जानेवारी सावन सुरू जालो आनी अंदूं 13 फेब्रुवारी मेरेन चालू उरलो. अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचे दुसरे पांवडे फाटल्या म्हयन्याच्या 8 तारखेक सुरू

जाले. पयल्या पांवड्यार  राष्ट्रपतीचे  उपकार प्रस्ताव आनी 2026-27 वर्साच्या केंद्रीय अर्थसंकल्पाचेर चर्चा जाली. दुसऱ्या पांवड्यार संसदेन अर्थ विधेयक 2026 आनी विनियोग (क्रमांक 2) विधेयक 2026 हांकां मान्यताय दिली.

Naidu

देशांतल्या विमान  घटकांचें उत्पादन आनी देखरेख करपा विशीं काल नवी दिल्लींत नागरी विमानन सल्लागार समितीचे बसकेचे अध्यक्षपद नागरी विमानन मंत्री के राममोहन नायडू हांणी केलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत नायडू हांणी घरगुती क्षमता घटमूट करून आनी भारताक जागतीक विमान पुरवण साखळींत सुवात दिवन आत्मनिर्भर विमान पर्यावरण प्रणाली तयार करप ही सरकाराची दृश्टी आसा अशे सांगलें . हे बसकेंत समितीच्या वांगड्यांनी ही नदर मुखार व्हरपा खातीर आनी एक घटमूट पर्यावरण यंत्रणा तयार करपा खातीर मोलादीक सुचोवण्यो केल्यो.

hanuman

हनुमान जयंती आयज देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी धर्मीक उमेदीन मनयतात. हो दीस भगवान हनुमानाच्या जल्माचो उगडास करतात. राष्ट्रीय राजधानींत सकाळीं सावन हनुमान देवळांनी भक्तांची गर्दी करून प्रार्थना करपाक लागल्यात. नवी दिल्लींतल्या कनाट प्लेस हांगाच्या ‘प्राचीन हनुमान देवळांत’ लोकांची व्हडली धांवपळ दिसता. ह्या निमतान देवळांनी ‘हनुमान चालीसा’, ‘सुंदरकांड’ आनी ‘अखंड रामायण’ हांचो पाठ करतात.

Imd

भारतीय हवामान खात्यान आयज मध्य प्रदेश आनी महाराष्ट्रात वादळा वांगडा गडगड येवपाचो अदमास उक्तायला

cricket

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं लखनौ हांगाच्या भारत रत्न अटल बिहारी वाजपेयी एकना स्टेडियमांत जाल्ले सर्तीच्या पांचव्या मॅचींत दिल्ली कॅपिटल्सान लखनौ सुपर जायंटसक स विकेटींनी हारयलो.

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सुरक्षा मंत्रीमंडळ समितीचे अध्यक्षपद सांबाळून वेगवेगळ्या मंत्रालयांनी आनी खात्यांनी घेतिल्ल्या उपायांचें नियाळ घेवपा खातीर खासा बसकेंत वांटो घेतलो

* रशियेचे पयले उपप्रधानमंत्री Denis Manturov आयच्यान भारता भेतीर आसतले .

* केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज दनपारां विधानसभा वेंचणुके आदीं प्रचार करपा खातीर दोन दिसांच्या भेटीचेर आसामांत पावतले.

*19 राज्यांनी आतां मेरेन 9.25 कोटी शेतकार आयडी तयार जाल्यात अशें केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां.